# गोवा कोंकणी अकादेमी

पणजी- गोंय

## येवजणेचें नांव : लोकवेद संशोधनवृत्ती

अर्जिपत्र

1. उमेदवाराचें नांव आनी पत्तो : ------------------------------
------------------------------
2. फोन, ई-मेल, : ------------------------------
आनी फॅक्स ------------------------------

4. पिराय :------------------------------

5. शिक्षण :------------------------------

6. नोकरी/वेवसाय : ------------------------------

7. हाचे आदीं लोकवेद वा संबंदीत विशयाचेर काम केलां ?
(केलां आसत तर तेविशींची माहिती जोडची )

8. कोंकणी भाशेखातीर कितें योगदानः
दिलां ? (तेविशींची माहिती जोडची )

9. आनीक कितें सांगपाचें आसा ?
( आसा जाल्यार वेगळें पान जोडचें )

10. खंयच्याय विशयाचेर वावर करूंक सोदता तांचो थोडोभितर म्हायती( सारांश Synopsis)

तारीख : ______

जागो : ______

**( अर्ज करप्याची निशाणी )**

( अर्जिपत्र पावपाची निमणी तारीख :- 5/10/2023 )

(गोवा कोंकणी अकादेमीच्या लोकवेद संशोधनवृत्ती विशींची सगळी नेमावळ हांवें वाचल्या. ती हांव मानून घेता आनी ते नेमावळीक पाळो दिवपाचें हांव उतर दितां. )

**( अर्ज करप्याची निशाणी )**

गोवा कोंकणी अकादेमी

पणजी- गोंय

येवजणेचें नांव : लोकवेद संशोधनवृत्ती

**येवजणेचे नेम :**

1. हे येवजणेखातीर जाहीरपणान अर्ज मागयतले, इत्सूक उमेदवारांनी अकादेमीच्या विहीत नमुन्यांत अर्ज भरून अकादेमीक सादर करचो पडटलो.

2. लोकवेद विभाग समितीन सुचयिल्ल्या विशयाक धरून संकलकान/ संशोधकान वावर करचो पडटलो.

3. नेमून दिल्ल्या क्षेत्राभितरच क्षेत्रकाम करचें पडटलें.

4. वावर अकादेमीच्या लोकवेद विभाग मुखेल्याच्या वा अकादेमीन नेमिल्ल्या तज्ञाच्या मार्गदर्शनाखाला करचो पडटलो.

5. व्हिडीयो-ओडियो सिडीस, फोटो आनी कोंकणी भाशेंत बरयिल्लो लिखीत नियाळ- टिपणां हया स्वरूपांत वावर अकादेमीक सादर करचो पडटलो.

6. सादर केल्ल्या अंतीम वावराची नियाळणी/ तपासणी लोकवेद विभाग समितीचे अध्यक्ष वा तांणी सुचयिल्ली तज्ञ व्यक्ती करतली.

7. मान्य जाल्ले संशोधनवृत्तीची रक्कम अकादेमी दोन वांट्यांनी फारीक करतली. करार सय जातकच 50% आनी वावर पुराय जावन मान्य जातकच 50% .

8. संशोधनवृत्तीचे रक्कमेभायर, रंगीत फोटो तशेंच सिडीस आनी स्टेशनरीचीं बिलां प्रमाणीत करून अकादेमीक सादर केल्यार तांचे वेगळे पयशे अकादेमी दितली.

9. क्षेत्रांत वचपाखातीर वेगळो प्रवास खर्च अकादेमी दिवंची ना.

10. वयल्या कामासंबंदान अकादेमीक भेट दिवंची पडल्यार तेखातीर वेगळो यो-वच खर्च संकलकाक मेळचो ना.

11. कसल्याय अडचणीक लागून वावर पुराय करूंक पावलेना जाल्यार दिल्ली रक्कम परत घेवपाचो वा वावर अकादेमीचे अपेक्षेप्रमाण जालो ना जाल्यार तो थांबोवपाचो अधिकार अकादेमीक आसतलो.

## गोवा कोंकणी अकादेमी

पणजी– गोंय

## येवजणेचें नांव : लोकवेद संशोधनवृत्ती

* येवजणेचें वर्स : ------------------
* येवजणेचो उद्‌देस : विद्यापीठ पावंड्यावेले विद्यार्थी आनी युवक हांचेमदीं लोकवेद क्षेत्रांत संशोधन आनी संकलन करपाची आवड निर्माण करप.

1) येवजणेची कार्यवाही : दर वर्सा ही येवजण चालीक लायतंले.

2) कार्यक्षेत्र : गोंयचो भौंगोलीक वाठार (लोकवेद समितीचे शिफारशीक धरून हे मर्दी बदल जावूं येता ).

3) संकलक/संशोधक : अ ) दर वर्सा पांच (आंकड्यांत बदल जावूं येता ) संकलकाक/ संशोधकांक ही संशोधनवृत्ती भेटयतले.

आ) विद्यापीठ स्थरावयल्या विद्यार्थ्यांखातीर तशेंच 40 वर्सांमेरेनच्या तरणाट्यांक हे येवजणेचो लाव घेवंक मेळटलो.(पिरायेचे अटींत परिस्थीती प्रमाण बदल जावूं येता )

इ ) उमेदवाराक कोंकणी भाशा बरोवंक वाचूंक येवप गरजेचें, तशेंच भास, संस्कृती, समाजशास्त्र, लोकवेद ह्या क्षेत्रांत, क्षेत्रकाम वा प्रकल्प /प्रबंध निर्मिती केल्ल्याचो अणभव गरजेचो.

4 ) संशोधनवृत्तीची : चालू अर्थीक वर्सा अकादेमी दर एका उमेदवाराक, दरेकी रू. 20,000/- रक्कम (हे रक्कमेंत वेळा–वेळार बदल जावूं येता) संशोधनवृत्ती दितली.

5) वावराचो काळ : चडांत चड तीन म्हयने वा समिती सुचयता ते प्रमाण

6) वावराचो विशय : समितीचे सुचोवणेप्रमाण गोंयच्या लोकवेदाचो खंयचोय एक वा अदीक प्रकार

7) वावराचें स्वरूप : ह्या संशोधनवृत्तीखाला केल्ल्या वावराचें स्वरूप चड करून संकलनरूपी आसतलें, पूण एखाद्रयान चिकित्सक अभ्यास केल्यार अकादेमीचेवतीन तो/ती शाबासकेक पात्र थारतलो/ली.

8) नियाळ सादरीकरण : अ) ऑडिओ/व्हिडिओ सिडीस, फोटो आनी लिखीत रूपान वावराचो नियाळ अकादेमीक सादर करचो पडटलो.

आ) सादर केल्ल्या नियाळाच्या आदारार एखादें पुस्तक तयार करून, दुसर संस्थेवरवीं तें प्रकाशीत करपाचें आसल्यार तार्णे/तिणें अकादेमी कडल्यान मान्यताय घेवप वा अकादेमीक कळीत करप बंधनकारक आसतलें. अकादेमीक दिसलें जाल्यार अकादेमी स्वता त्या वावराचें पुस्तक प्रसिध्द करतली वा ताका/तिका हेर संस्थेकडेन वचूंक मान्यताय दितली.